आकाशवाणी पणजी राष्ट्रीय खबरापत्र 23.01.2025 सकाळी 8.40

- नेताजी सुभाष चंद्र बोस हांच्या जयंतीनिमतान आयज पराक्रम दिवस 2025 मनयतले. तीन दिसांचो हो उत्सव संस्कृती मंत्रालयान घडोवन हाडला. नेताजीचे जल्मस्थान आशिल्ल्या ओडिशाच्या कटक शारांत हो उत्सव जातलो. हालींच आपल्या मन की बात कार्यावळींत प्रधानमंत्री नरेंद्र मोदी हांणीय पराक्रम दिसाचो उल्लेख करून नेताजी सुभाष चंद्र बोस हांच्या योगदानाचो उगडास केलो. नेताजीच्या स्वभावांत धैर्य रूजिलले आशे सुभाष बाबूक दूरदर्शी फुडारी अशें म्हणत प्रधानमंत्री मोदी हांणी सांगलें. नेताजी विशीं शक्य तितले वाचून ताच्या जिवितांतल्यान प्रेरणा घेवची अशें तांणी देशांतल्या तरणाट्यांक आवाहन केला. पराक्रम दिस 2025 कार्यावळीचें उक्तावण ओडिशाचे मुख्यमंत्री मोहन चरण माझी करतले. ह्या वेळार जायते मानेस्त नेताजीक आरगा ओपतले. नेताजी बोस हांचो जल्म जाल्ल्या घरांत राष्ट्रीय ध्वज उबारतले, जें आतां सुभाष चंद्र बोस हांका समर्पीत केल्ल्या संग्रहालयांत रुपांतरीत केलां. बाराबाती किल्ल्यांतल्यान पराक्रम दिसाची सुरवात प्रधानमंत्री नरेंद्र मोदी हांच्या व्हिडियो संदेशान जातली आनी नेताजीच्या जिविताचेर लक्ष केंद्रीत केल्लें पुस्तक, फोटो आनी अभिलेख प्रदर्शन आसतलें, तातूंत ताच्या उल्लेखनीय प्रवासांतले दुर्मिळ फोटो, पत्रां आनी दस्तावेज दाखयतले. हे निमतान शिल्प कार्यशाळा आनी चित्रकला सर्त-सह-कार्यशाळेचीय येवजण आसा. तशेंच नेताजीच्या दायजाचो भोवमान करून आनी ओडिशाच्या गिरेस्त सांस्कृतीक परंपरेचेर भर दिवपी सांस्कृतीक सादरीकरणांय ह्या कार्यावळींत जातलीं. ह्या कार्यावळी वेळार नेताजीच्या जिविताचेर चित्रपटय दाखयतले.
- दावोसांत जाल्ले संवसारीक अर्थीक मंचाचे वर्सुकी बसका 2025आंत महाराष्ट्र सरकारान 15.70 लाख कोटी रुपया मोलाचे 54 कबलाती केल्यात. ह्या करारां वरवीं वेगवेगळ्या क्षेत्रांनी सुमार 16 लाख नोकऱ्यो मेळटल्यो अशें मुख्यमंत्री कार्यालयाच्या निवेदनांत म्हणलां. एमएसएन होल्डिंग्स लिमिटेड राज्याच्या ‘अल्ट्रा मेगा प्रकल्प’ उपक्रमांतल्यान प्रगत लिथियम बॅटरी आनी सेल उत्पादन प्रकल्प स्थापन करपाची येवजण करता ही टातुटली एक मुखेल कबलात आसा.

14,652 कोटी रुपयांची गुंतवणूक जाय आशिल्ल्या ह्या प्रकल्पांत विदर्भा वाठारांतल्या उदरगतीचेर लक्ष केंद्रीत करून 8,760 प्रत्यक्ष आनी अप्रत्यक्ष नोकऱ्यो निर्माण करपाचो हेतू आसा.

- महाराष्ट्रांत काल सांजे जळगांव जिल्ह्यांत जाल्ल्या रेल्वे अपघातांत 12 जाणांक मरण आयलें आनी जायते जाण जखमी जाले. राष्ट्रपती द्रौपदी मुर्मू, प्रधानमंत्री नरेंद्र मोदी, केंद्रीय घरमंत्री अमित शाह आनी रेल्वे मंत्री अश्विनी वैष्णव हांणी हेविशी दुख्ख उक्तायलां आनी जखमीं खातीर बेगीन बरे जावपाची इत्सा उक्तायल्या. जलगांव जिल्ह्यांतल्या पचोरा रेल्वे स्टेशन लागसार काल सांजे चार वरांचे सुमाराक हो अपघात जालो. केंद्रीय रेल्वेचे मुखेल जनसंपर्क अधिकारी डॉ स्वप्नील नीला हांणी दिल्ले म्हायती प्रमाण पुष्पक एक्सप्रेसांत लागसारच्या एका डब्यांत उजो लागल्या अश्या अफवेक लागून गजर साखळी ओडपाची घडणूक घडली. ताका लागून कांय प्रवासी रेल्वेंतल्यान देंवले. ट्रॅकांचेर आसतना तातूंतल्या जायत्या जाणांक उरफाटे दिकेन येवपी कर्नाटक एक्सप्रेसान धपको दिलो. सध्या जखमी प्रवाशांतल्या खंयच्याच प्रवाशाची भलायकी गंभीर ना अशें जळगांव एसपी डॉ महेशर रेड्डी हांणी सांगलें. महाराष्ट्राचे मुख्यमंत्री देवेंद्र फडणवीस हाणी ट्विटांवरवी दुख्ख उक्तायले. मरण आयील्ल्यांच्या कुटुंबांक ₹5 लाखांची अर्थीक मजत दिवपाची घोशणा केली. तशेंच जखमी लोकांचो पुराय वैजकी खर्च राज्य सरकार करतले अशेयताणीसांगले. मुख्यमंत्री फडणवीस हाणी केंद्रीय गृहमंत्री अमित शाहाक हे घडणुके विशीं अद्ययावत म्हायती दिल्या. मरण आईल्ल्यांक जलगांवच्या सरकारी वैजकी म्हाविद्यालय आनी हॉस्पिटलांत हाडल्यात. टातुटल्या पांच जाणांची वळख जाल्या. 0257-2217193 ह्या नंबराचेर जलगांव जिल्हाधिकारी कार्यालयांत हेल्पलायन सेवा उपलब्ध करून दिल्या. ह्या अपघाताक लागून मुंबयच्यान येवपी सुमार 8 गाडयो देड ते दोन वरां मेरेन कळावान धावतात अशी म्हायती रेल्वे प्रशासनान दिल्या. तातूंत पंजाब मेल, गीतांजली, हरिद्वार, कर्नाटक एक्सप्रेस, सीतापूर सुपर फास्ट, बडनेरा नासिक रेल्वे हांचो आस्पाव आसा.
- केंद्रीय वाणिज्य आनी उद्देग मंत्री पीयूष गोयल हांणी 2030 मेरेन 10,000 भौगोलिक संकेत (जीआय) टॅग मेळोवपाचें ध्येय थारायलां.नवी दिल्लींतल्या

जीआय समागमाक मार्गदर्शन करतना तांणी, हें लक्ष्य, पुराय सरकारी पद्दतीन साध्य जातलें, आनी हाचेर देखरेख दवरपा खातीर सरकार एक समिती तयार करतलें अशे सांगलें. खात्यान आयज मेरेन जारी केल्ल्या जीआय टॅगांचो आंकडो 605 आसा अशी म्हायती तांणी दिली.बौध्दिक संपत्ती पर्यावरण प्रणालीक (आयपीआर) पर्यावरण प्रणालीक चालना दिवपा खातीर प्रधानमंत्री नरेंद्र मोदीच्या काळांत सरकारान केल्ल्या यत्नांचेर मंत्रीन भर दिलो. फाटल्या 10 वर्सांत जीआय टॅग खातीर अधिकृत वापरप्यांची संख्या वाडली आनी दिल्ल्या पेटंटांची संख्या 6000 वयल्यान एक लाख मेरेन वाडली. प्रधानमंत्रीन दिल्ल्या 'विकास भी और विरासत भी' हे कल्पनेचेर भर दितना मंत्री गोयलान आपल्या 'मन की बात' रेडिओ कार्यावळींत वेगवेगळ्या उत्पादनांचो उल्लेख करपा सयत प्रधानमंत्रीच्या सतत यत्नांचेर भर दिलो.

- इलॅक्ट्रॉनिक्स आनी म्हायती तंत्रज्ञान मंत्रालयान काल जाहीर केल्ल्या "भारताच्या डिजिटल अर्थवेवस्थेचो अदमास आनी मेजप" ह्या व्यापक अहवाला प्रमाण भारताची डिजिटल अर्थवेवस्था 2030 मेरेन एकूण देशांतल्या उत्पादनांत (जीडीपी) 20 टक्के योगदान दिवपाक तयार आसा. संसाधनां एके वळीन दवरपाक आनी देशा खातीर प्रभावी वाडीची रणनिती तयार करपाक हो अहवाल एक म्हत्वाचें साधन म्हणून काम करतलो हाचेर मंत्रालयान भर दिलो.
- धुक्याक लागून 25 वयर गाडयो कळावान चलतात अशी म्हायती भारतीय रेल्वेन दिल्या. ह्या गाडयांनी दुरोंटो एक्सप्रेस, बिहार संपर्क क्रांती, लखनौ मेल, यूपी संपर्क क्रांती, राजधानी एक्सप्रेस, पूरवा एक्सप्रेस आनी हेर गाडयो आसात. ह्यो गाडयो उण्यांत उणे 30 मिनटां आनी चडांत चड चार वरां थारायिल्ल्या वेळापरस उसरा चलतात अशें रेल्वेन सांगलें.
- बेटी बचाओ बेटी पढ़ाओ चळवळीक 10 वर्सां पुराय जाल्ल्यान ही चळवळ एक परिवर्तनकारी, लोक-संचालित उपक्रम जाल्या आनी सगळ्या थरांतल्या लोकांचो सहभाग तातूंत आसा अशें प्रधानमंत्री नरेंद्र मोदी हांणी म्हणला. सोशल मिडियाचेर केल्ल्या पोस्टांत मोदी हां, ही चळवळ लिंगभेदांव पयस करपाक आनी चलयांक शिक्षण दीवपाक योग्य वातावरण तयार करपाक आनी तांचीं सपनां साध्य करपाक संद मेळपाक मदत केल्या.

- आयज राश्ट्रीय राजधानींतल्या कर्तव्य पथाचेर प्रजासत्ताक दिसाच्या परेडाची पुराय ड्रेस रिहर्सल जातली. विजय चौका वयल्यान सकाळीं 10.30 वरांचेर सुरू जातली आनी लाल किल्ल्या मेरेन वतली. ह्या वेळार टी-90 टँक, नाग क्षेपणास्त्र सिस्टम आनी पिनाका रॉकेट सिस्टम देशाची लश्करी शक्त दाखयतली. हाचे भायर सशस्त्र दळांचे वेगवेगळ्यो मार्चिंग तुकडयो आनी वेगवेगळ्या राज्यांतले पंगड वेगवेगळे संस्कृतीक समावेशकता दाखयतले. भारतीय वायुसेना-आयएएफ हांचीं वेगवेगळीं झुजारी विमानां आनी विमानांय कर्तव्य पथाचेर चित्तथरारक हवाई प्रदर्शना सादर करतले. ह्या निमतान राश्ट्रीय राजधानींत व्हड प्रमाणांत येरादारीची वेवस्था केल्या.
- क्रिकेटांत काल रातीं कोलकाता हांगाच्या ईडन गार्डन्सांत जाल्ल्या पांच मॅचींच्या मालिकेच्या पयल्या टी-20 सर्तींत भारतान इंग्लंडाक सात विकेटींनी हारयले . पयली इंग्लंडा आड 132 धांवड्यो मारल्यो. भारतान फक्त 12.5 ओव्हरींनी 133 धांवड्यांचे लक्ष साधले . अभिषेक शर्मा हाणें फलंदाजी वांगडा तोखणायेची कामगिरी करून फक्त 34 बॉलांनी 79 धांवड्यो केल्यो.
- इंडोनेशिया मास्टर्स सुपर 500 बॅडमिंटन सर्तींत दादल्यांच्या एकेरी सर्तीच्या दुसऱ्या फेरयेंत इंडियन शटलर लक्ष्या सेन आनी जपानचो केन्टा निशिमोटो हांचे मदीं सामनो जातलो. काल जपानाच्या ताकुमा ओबायशीक खेळांत हारयले उपरांत लक्षान फुडें प्रवेश केलो